# भौशीक बांदकाममंत्र्यान कुंडय वाठारात विकास कामांचो शुभारंभ केलो

ता.28 मार्च 2018
7 चैत्र 1940

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी आयज मावजोवाडो-कुंडय वाठारात रू. 10 लाख खर्च करून बांदपात येवपी रस्त्याच्या कामाचो शुभारंभ केलो.

कुंडय वाठारात दोन कोटी खर्च करून नवीन रस्ते आनी हेर विकासाची कामा प्राधान्यक्रमान करतले, अशें हया वेळार उलयताना श्री. ढवळीकर हांणी सांगले. तशेंच तांणी आपल्या गावच्या विकासाखातीर लोकांनी एकजूट रावन सरकारच्या यत्नांक सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

कुंडयचे सरपंच श्री. रामू नाईक, उपसरपंच श्री. मोहन गावडे, पंच श्री. विश्वास फडते, लक्ष्मण जोशी, श्रीमती संचिता परवार, कु. शिल्पा कुवेलकर, देवेंद्र वेलिंगकर, पालवी अभियंते श्री. बखले आनी हेरांची हयावेळार उपस्थिती आशिल्ली.